# गोंयांत कॉर्पोरेट समाजीक जबाबदारीतल्यान उपक्रम चालीक लावपाक समजीकाय कबलात

ता. 18 ऑक्टोबर 2023

गोंयांत कॉर्पोरेट समाजीक जबाबदारीच्या प्रयत्नांतल्यान भलायकी सेवेच्या मळार विवीध उपक्रम चालीक लावपा खातीर आयज पॉवर ग्रिड कॉर्पोरेशन ऑफ इंडिया लिमिटेड, भलायकी सेवा संचालनालय आनी गोंय कॉर्पोरेट सोशल रिस्पॉन्सिबिलिटी अथॉरिटी हांच्यामदी समजीकाय कबलात जाली. कांपाल पणजी हांगा भलायकी सेवा संचालनालयांत आयोजीत कार्यक्रमात नियोजन आनी सांखिकी खात्याचे संचालक आनी गोंय कॉर्पोरेट सोशल रिस्पॉन्सिबिलिटी अथॉरिटीचे जोड मुख्य कार्यकारी अधिकारी श्री. विजय सक्सेना आनी पॉवर ग्रिड कॉर्पोरेशन ऑफ इंडिया लिमिटेडचे वरिश्ठ सरवेवस्थापक श्री. शंकर बी. आर. राव हांणी समजीकाय कबलातीचेर सय केली.

पॉवर ग्रिड कॉर्पोरेशन ऑफ इंडिया लिमिटेडचे वरिश्ठ उपसरवेवस्थापक श्री. बी. एल. कुमरे, भलायकी सेवा संचालनालयाचे जोड लेखा संचालक श्री. किसन गावडे आनी भलायकी सेवा संचालनालयाचे हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

ह्या कबलाती प्रमाण वैजकीय उपकरणांची पुरवण, रक्तपेढीचे आधुनिकरण, अॅडव्हान्स्ड लाईफ सपोर्ट एम्बुलन्स आनी हेर भलायकी सुविधां खातीर पॉवर ग्रिड कॉर्पोरेशन ऑफ इंडिया वतीन मजत करपात येतली. .

भलायकी सेवा उपसंचालक डॉ.रुपा नाईक हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो आनी डॉ. अदिती बुडकुले हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/814

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.